## <u>राज्यपालाकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>

ता. 4 सप्टेंबर 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या शिक्षक वर्गाक शिक्षक दिसानिमतान परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, 5 सप्टेंबर 2020 दिसा मनोवपात येवपी शिक्षक दिसाच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या समस्त शिक्षक वर्गाक म्हजी ह्नद्नीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

शिक्षक दीस हो भुरग्यांक शिक्षण दिवपाक शिक्षकांकडल्यान अनेक वर्सांसावन करपात येवपी कठीण परिश्रम आनी समर्पणाचो सन्मान जावन आसा. भारताचे पयले उपराष्ट्रपती आनी दुसरे राष्ट्रपती तशेंच म्हान तत्वज्ञानी, शिक्षणतज्ञ आनी सदाकाळ शिक्षक आशिल्ले डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांका शिक्षक दीस समर्पित आसा.

खास करून कोवीड महामारीच्या काळात, जेन्ना विद्यार्थ्यांच्या सुरक्षेखातीर शाळां बंद आसात, अशा काळात विद्यार्थ्यांक घरांत बशिल्लेकडेन ऑनलायन शिक्षण दिवपा खातीर शिक्षकांकडल्यान प्रयत्न चालू आसात हे म्हत्वाचे आसा. अनेक शिक्षक आनी खास करून ज्येश्ट शिक्षकांनी आपल्या विद्यार्थ्यांमेरेन पावपा खातीर स्वता ऑनलायन शिक्षणाचे तंत्रज्ञान शिकून घेवन विद्यार्थ्यांक ऑनलायन शिक्षण दितात हे तोखणायेचे. आयच्या संकश्टाच्या काळात विद्यार्थ्यांक आरामात आपल्या घरा बसून शिकपाक मेळटा देखून प्रत्येक विद्यार्थ्यी आनी तांच्या पालकांनी शिक्षकांचे उपकार मानपाक जाय. तशेंच ऑनलायन शिक्षण माध्यम यशस्वी करपा खातीर पालकांनी शाळां प्रशासनांक आनी शिक्षकांक पुराय सहकार्य करचें अशें हांव पालकांकडेन मागता.

आपली बुद्दीमत्ता आनी मार्गदर्शना वरवीं भुरग्यांची जडण घडण करपी आनी संस्कारांचे शिक्षण दिवन प्रत्येकांक ह्या देशाचो आदर्श नागरीक घडोवपी शिक्षक हो राष्ट्राच्या बांदावळीक म्हत्वाचे योगदान दिता. शिक्षक दिसानिमतान शिक्षक आनी तांच्या विद्यार्थ्यांमदले नाते मजबूत जाता.

आमची भुरगीं आनी आमच्या देशाचो फुडार घडोवपाखातीर 2020 च्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरणात शिक्षकांक प्रेरणा दिवपाचेर आनी सशक्तीकरणाचेर भर दिल्लो आसा, ही समाधानाची गजाल जावन आसा. शिक्षकांचो आदर आनी शिक्षकी पेशाचो दर्जो राखपाचोय ह्या धोरणा वरवीं प्रयत्न आसा.

ह्या प्रसंगार हांव गोंयच्या शिक्षक वर्गाक आपल्या शिक्षकी पेशाकडेन समर्पित जावन जबाबदारी , प्रामाणीकपणान आनी दुरदृश्टीच्या भावनेन आपले कर्तव्य निभावपाचो उलो मारता आनी आयच्या कठीण काळात शिक्षण सोपे करपा खातीर तांणी केल्ल्या प्रयत्नां खातीर तांचे अभिनंदन करता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/437

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA